# कृष्णदासा श्यामा मध्यवर्ती वाचनालयावतीन संवसारिक पुस्तक दीस कार्यक्रमाचे आयोजन

ता. 26 एप्रिल 2022

समाजात वाचन संस्कृतीक प्रोत्साहन दिवपाखातीर 23 एप्रिलाक जगभरांत संवसारिक पुस्तक दीस मनयलो. गोंयांत कृष्णदासा श्यामा गोंय राज्य मध्यवर्ती वाचनालयावतीन फाल्या बुधवार ता. 27 एप्रील 2022 दिसा संवसारिक पुस्तक दीस मनोवपात येतलो. त्या निमतान पाटो-पणजी हांगाच्या संस्कृती भवनातल्या बहुउद्देशीय सभाघरांत दीसभराचो कार्यक्रम जातलो. सकाळी 10.00 वरांचेर कार्यक्रमाचे उक्तावण जातले. उक्तावण कार्यक्रमाक कॉर्पोरेट ट्रेनर आनी समाज सेवक प्रविण सबनीस, कला आनी संस्कृती संचालनालयाचे संचालक श्री सगुण वेळीप, उपसंचालक आनी क्युरेटर श्री अशोक परब, पालवी राज्य ग्रंथपाल श्रीमती सुलक्षा एस. कोळमुळे, ग्रंथपाल आनी हेर अधिकारी उपस्थित आसतले.

गोंयांत 2021-22 वर्सा प्रकाशीत जाल्ल्या पुस्तकांचे प्रदर्शन आयोजीत केला. मानेस्तांच्या हस्तुकीं प्रदर्शनाचे उक्तावण जाले उपरांत चर्चासत्र जातले. सांजेच्या सत्रांत एनजीओ आनी पंचायत वाचनालयांच्या प्रस्नांचेर ग्रंथपालावांगडा भासाभास जातली. मध्यवर्ती वाचनालयान पुस्तक प्रेमी आनी विद्यार्थांक कार्यक्रमाक उपस्थित रावपाची विनंती केल्या.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/298

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji